*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**संजय विशेंश शिक्षण केंद्राची प्रस्नोत्तरी सर्त**

ता. 10 डिसेंबर 2019

पर्वरीच्या संजय विशेंश शिक्षण केंद्रान ता. 13 डिसेंबर 2019 दिसा सकाळी 8.30 ते दनपरा 2.00 ह्या वेळेत “ब्रेन व्हिटा” ह्या अखिल गोंय प्रस्नोत्तरी सर्तीचे आयोजन केला. ह्या प्रस्नोत्तरी सर्तीत 14 वर्सा आनी वयल्या पिरायेचे आनी शिकपाच्या बाबतीत दिव्यांग आशिल्ले विद्यार्थी सहभागी जातले. एल. डी. सामंत मेमोरीयल हायस्कुल, पर्वरी, मुस्टीफंड हायस्कुल, कुजीरा बांबोळी, छब्बी चिक्स हायस्कुल, पर्वरी, संजय स्कुल, वास्को, संजय स्कुल, कुडचडे, डॉनबॉस्को, पणजी, होली क्रॉस, बस्तोडा, फेरीलॅण्ड हायस्कुल, पर्वरी आनी लोकविश्वास प्रतिष्ठान हायस्कुल, ढवळी- फोंडे ह्यो शाळां सहभागी जातल्यो.

डॉ. पद्मनाभ राताबोली हे क्विज मास्टर आसतले. संजय विशेंश शिक्षण केंद्राचे अध्यक्ष श्री. गुरूप्रसाद पावसकर आनी केंद्राच्यो वांगडी सचिव श्रीमती शेरू शिरोडकर हांचीय ह्या स्पर्धेवेळार उपस्थिती आसतली.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/834

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA